राजश्री कामत  राष्ट्रीय खबरो  16.10.2025 @ 8.40 AM

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज आंध्र प्रदेशाक भेट दितले. हे भेटी वेळार ते जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले, बुन्याद घालतले आनी राष्ट्राक समर्पित करतले

- नक्षलवादान सर्वाधिक प्रभावित जिल्ह्यांचो आंकडो स वयल्यान तीन मेरेन उणो केला अशें सरकारान म्हणला

- बिहार विधानसभा वेंचणुके खातीर भाजपान 18 उमेदवारांची तिसरी वळेरी जाहीर केल्या.

- भारतीय खेळां मळार इतिहासीक घडणुकेंत गुजरातांतल्या अहमदाबाद शाराक 2030 वर्साच्या राष्ट्रकुल खेळां सरती खातीर येजमान शार म्हणून शिफारस केल्या.

मोदी 90

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज आंध्र प्रदेशाक भेट दितले. हे भेटी वेळार ते नंद्याल जिल्ह्यांतल्या श्रीशैलम हांगाच्या श्री भ्रमरम्बा  मल्लिकार्जुन स्वामी वरला देवस्थानांत दर्शन आनी प्रार्थना करतले. तशेंच श्रीशैलमांतल्या श्री शिवाजी स्फूर्ती केंद्राक भेट दितले. दनपारां प्रधानमंत्री कुर्नूलांत सुमार 13,430 कोटी रुपयांच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले, बुन्याद घालतले आनी राष्ट्राक समर्पित करतले. उद्देग, वीज प्रसारण, रस्ते, रेल्वे, संरक्षण उत्पादन आनी पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू अशा मुखेल क्षेत्रांनी हे प्रकल्प पातळल्यात, जे प्रादेशिक मुळावी बांदावळ वाडोवपाक, उद्देगीकी करणाक गती दिवपाक आनी राज्यांत समावेशक समाजीक-आर्थीक उदरगत हाडपाक सरकाराची वचनबद्धताय दाखयतात. मोदी हे निमतान भौशीक बसकेंतय उलयतले .

कलाम 50

फामाद शास्त्रज्ञ, भारतरत्न आणि आदले राष्ट्रपती डॉ. ए पी जे अब्दुल कलामांच्या जयंतीनिमित्त  राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उपराष्ट्रपती  सी.पी. राधाकृष्णन आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी तांका आदरांजली ओपली. सोशल मीडिया संदेशात प्रधान मंत्र्यान म्हणले की, डॉ. कलाम हे एक दूरदर्शी आशिल्ले ज्यांनी तरणाट्यांच्या मनात जागृती निर्माण केली आणि देशाक व्हड स्वप्न पळोवपाची प्रेरणा दिली.

नक्सल 80

नक्षलवादान सर्वाधिक प्रभावित जिल्ह्यांचो आंकडो स वयल्यान तीन मेरेन उणो केला अशें सरकारान म्हणला . आतां फकत छत्तीसगढांतले बीजापूर, सुकमा आनी नारायणपूर हे जिल्हे डाव्या विचारसरणीच्या  अतिरेकीवादान सर्वाधिक प्रभावित जिल्हे आसात. नक्सल मुक्त भारत तयार करपाच्या नरेंद्र मोदी सरकाराच्या दृढनिश्चयाच्या दिकेन हो आंकडो व्हड प्रगती दाखयता अशें गृह मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां. 31 मार्च 2026 मेरेन नक्सलवादाची भिरांत पुरायपणान ना करपाक सरकार वचनबद्ध  आसा अशें मंत्रालयान सांगलां. हाचे आदीं महाराष्ट्राच्या गडचिरोली जिल्ह्यांत 61 नक्षलवाद्यांनी  आत्मसमर्पण केले जाल्यार छत्तीसगढांतल्या सुकमा जिल्ह्यांत 27 माओवाद्यांनी शरणागती  पत्करली

BJP 50

बिहार विधानसभा वेंचणुके खातीर भाजपान 18 उमेदवारांची तिसरी वळेरी जाहीर केल्या. पक्षान नारकटिया गंजांतल्यान संजय पांडे, चनपटियां तल्यान उमाकांत सिंग आनी चिरैया कडल्यान लालबाबू प्रसाद गुप्ताक उमेदवारी दिली. कोचधामन मतदार संघांतल्यान बीना देवी, राघोपूरांतल्यान सतीश कुमार यादव आनी पीरपैंती तल्यान मुरारी पासवान लढो दितले. हाचे वांगडाच पक्षान 101 जाग्यांचेर उमेदवार जाहीर केल्यात.

राष्ट्रकुल 90

भारतीय खेळां मळार इतिहासीक घडणुकेंत गुजरातांतल्या अहमदाबाद शाराक 2030 वर्साच्या राष्ट्रकुल खेळां सरती खातीर येजमान शार म्हणून शिफारस केल्या. राष्ट्रकुल खेळां कार्यकारी मंडळाचे बसकेंत ही घोशणा केल्या, कारण राष्ट्रकुल खेळां चळवळीच्या शताब्दी उत्सवा वांगडाच हे खेळ जातले. नोव्हेंबर 2025 वर्सा राष्ट्रकुल खेळां संघटनेच्या महासभेसमोर सादर जावपी ही शिफारशी संवसारीक खेळां मळार भारताच्या वाढत्या प्रतिमेचे प्रतिबिंब आसा. केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी प्रधानमंत्री मोदी हांच्या दूरदर्शी फुडारपणाक श्रेय दिवन देशाक परबीं दिली.अहमदाबादांत 2030 वर्सा जावपी राष्ट्रकुल खेळां सरत दरेका भारतीया खातीर एक अभिमानाची खीण थारतली अशें केंद्रीय खेळां मंत्री मनसुख मांडवीय हांणी म्हणला.

दिवाळी आनी छठ पुजा ह्या सणासुदीच्या हंगामांत मागणी पुराय करपा खातीर अंदू उत्तर रेल्वे 1 हजार अतिरिक्त खाशेली गाडयो चलयli

हरिनी 40

श्रीलंकेची प्रधानमंत्री हरिनी अमरसुरिया आयज दोन दिसांच्या अधिकृत भेटीचेर भारतांत पावतली. पदभार स्वीकारल्या उपरांत ही तिची पयली भेट. 18 ऑक्टोबर मेरेन अमरसुरिया वरिश्ठ राजकी फुडाऱ्यांक मेळून मुखेल द्विपक्षीय प्रस्न आनी जायत्या वाठारांनी सहकार्य घटमूट करपाचे मार्ग हांचेर चर्चा करतली.

आंबेडकर 40

सामाजिक न्याय आणि सक्षमीकरण मंत्रालयाच्या अंतर्गत येवपी डॉ. आंबेडकर फाउंडेशनान नवी दिल्लीत तीन नवीन डॉ. आंबेडकर अभ्यासपीठ स्थापन करपाक समजीकायच्या कबलातीचेर सय करपाक समारंभ आयोजित केला. मुंबई विद्यापीठ,

जयपूर राष्ट्रीय विद्यापीठ आणि उत्तराखंडातल्या जी.बी. पंत कृषी आणि तंत्रज्ञान विद्यापीठात ही अभ्यासपीठां स्थापन करतले

रेल्वे 60

दिवाळी आनी छठ पुजा हाचे फात भुयेर उत्तर रेल्वे 1 हजार अतिरिक्त खाशेली गाडयो चलयता.नवी दिल्लींत पत्रकार परिशदेंत उलयतना उत्तर रेल्वेचे महाव्यवस्थापक  अशोक कुमार वर्मा हांणी सांगलें, कार्यावळींचें कार्यक्षमतेन वेवस्थापन करपा खातीर समर्पीत नियंत्रण कक्ष स्थापन केला, जाका लागून चोवीस तास देखरेख सुनिश्चित जाता.मजगती केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपात  सोळावें आंतरराष्ट्रीय रेल्वे उपकरण प्रदर्शनाचें उक्तावण केले

नौदल 60

भारतीय नौदल आज  नवी दिल्लीत सायबर हल्ल्यांचो दर्या क्षेत्राचेर जावपी परिणाम आणि राष्ट्रीय सुरक्षा आणि आंतरराष्ट्रीय संबंधांर जावपी परिणाम या विषयार एक चर्चासत्र आयोजित करता. या चर्चासत्राचे उद्दिष्ट दर्या क्षेत्रातल्या सायबर धोक्यांबद्दल अधिक सखोल समज निर्माण करप आणि सायबर सुरक्षा वाडोवपाक आणि राष्ट्रीय सायबर सुरक्षा स्थिती मजबूत करपाक प्रमुख भागधारकांमदी सहकार्य वाडोवप आसा. इलेक्ट्रॉनिक्स आणि माहिती तंत्रज्ञान मंत्रालयाचे राज्यमंत्री जितिन प्रसाद उकता वण सत्रात मुखेल उलोवप करतले.

गोयल 50

वाणिज्य आणि उद्योग मंत्री पियुष गोयल हांणी म्हणाले की, रसायन आणि पेट्रोकेमिकल उद्योग भारताचे जागतिक फुडारपण मजबूत करू शकता. सीआयआयन आयोजित केलेया ७ व्या भारतीय रसायन आणि पेट्रोकेमिकल्स

परिषदेत उलयताना  मंत्र्यान  म्हणाले की, रसायन आणि पेट्रोकेमिकल उद्योगात नवीन तंत्रज्ञान विकसित करपाक आणि अर्थव्यवस्था आणि उद्योगा खातीर अत्याधुनिक उपाय प्रदान करपाक भारताक  आघाडीवर दवरपाची क्षमता आसा

सैन्य 50

भारतीय सैन्याच्या ७.६२ x ५१ मिमी असॉल्ट रायफलसा खातीर ॲडव्हान्स्ड नाईट साईट खरेदी करपाक संरक्षण मंत्रालयान ६५९ कोटी रुपयांची कबलात केल्या. नाईट साईट सैनिकांक SIG ७१६ असॉल्ट रायफलच्या दीर्घ प्रभावी पल्ल्याचो पूरायपणान वापर करपाक सक्षम करतले. संरक्षण मंत्रालयान एका निवेदनात म्हणला की, ही साईट ५०० मीटरच्या प्रभावी पल्ल्याच्या लक्ष्यांर,  नखेत्रांच्या प्रकाशातय, मारो करपाक सक्षम आसांत.

३५

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचकाखातीर अर्ज मागयता. अर्जदार पदवीधर आसपाक जाय कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्जपावपाची निमणी तारीख 20 oct आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो

रेल 100

कोंकण रेल्वे कॉर्पोरेशन लिमिटेडचे अध्यक्ष आनी वेवस्थापकीय संचालक संतोष कुमार झा हांणी कोंकण रेल्वेन रोहा ते वीर आनी मडगांव-माजोर्डा विभागा मदीं 47 किमी. लांबीचे डबल-ट्रॅकिंगचे काम पुराय केला अशी घोषणा केल्या. मंगळूर ते गोंय मेरेनच्या 265 किमी.च्या डबल ट्रॅकिंगाचें सर्वेक्षण बेगीन सुरू जातलें. वार्शीत म्हामंडळाच्या 35व्या स्थापना दिसाच्या कार्यावळींत उलयतना झा हांणी आपत्ती वेवस्थापन पुस्तिका  कोंकण रेल कथा सफर कथा संघाचो संग्रह आनी

दिव्यांग प्रवाशां खातीर के आर मिरर ॲप सुरू करपाची घोशणा केली. केआरसीएलाक  रिणमुक्त करपा खातीर रेल्वे मंत्रालयाक 7,776 कोटी रुपयाचो प्रस्ताव धाडला अशेंय तांणी सांगलें. केआरसीएलान गणेशोत्सवा वेळार 381 खाशेलीं गाडयो चलोवन 9 लाखां वयर प्रवासी व्हरून ह्या मार्गाचेर पयली रो-रो कार येरादारी सेवा सुरू केली.

क्रिकेट 30

आयसीसी बायलां क्रिकेट विश्वचषकांत काल कोलंबोच्या आर प्रेमदासा स्टेडियमाचेर जाल्ली मॅच पावसाक लागून रद्द जाल्या उपरांत पाकिस्तान आनी इंग्लंडाक दरेकीं एक गूण मेळळे.

शूटिंग 100

ग्रीसांतल्या अथेन्सांत जाल्ल्या आंतरराष्ट्रीय शूटिंग स्पोर्ट्स फेडरेशन ISSF च्या संवसारीक चॅम्पियनशिप शॉटगन 2025 सर्तींत दादल्यांच्या ट्रॅप पात्रतायेच्या पयल्या दिसा उपरांत अनुभवी भारतीय नेमबाज झोरावर सिंग संधूने स्थिर कामगिरी करत आघाडीच्या खेळाडूं वागडा रावपाचो यत्न केलो.

वेदर 65

भारतीय  हवामान खात्यान आयज केरळ, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांगा व्हड पावस पडपा खातीर ऑरेंज अलर्ट जारी केला. आंध्र प्रदेश, तेलंगणा, कोंकण, गोंय, मध्य प्रदेश आनी मराठवाडा हांगा गडगड आनी वीजें सयत खर वारें व्हावपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.